गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

**मुख्यमंत्र्याची साळगांवच्या कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाक भेट**

ता. 19 जून 2018

29 ज्येष्ठ 1940

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल साळगांवच्या कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाक भेट दिवन थंयच्या कोयर प्रक्रिया कामाची पळोवणी केली.

म्हापशेचे आमदार श्री. जोशुआ डिसौझा, घनरूप कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. लेविन्सन मार्टिन आनी हेर अधिकारी हया वेळार हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान संबंदीत अधिका-यांवांगडा बसका घेवन प्रकल्पातल्या कामाचेर चर्चा केली. साळगांवच्या कोयर प्रक्रिया प्रकल्पात दिसाक 150 टन कोयराचेर प्रक्रिया जाता. हया प्रकल्पात आधुनिक पद्दतीन कोयराचेर प्रक्रिया करतात. अशेंच कोयर प्रक्रिया प्रकल्प कुंडय, पिसूर्ले आनी कोळवाळ उद्देगीक वसणूकेत उबारपा खातीर जाग्यांची निवड केल्या. दोन वर्सा उपरांत सगळया तरेच्या कोयराचेर प्रक्रिया करपी प्रकल्प आशिल्ले गोंय हे एकमेव राज्य आसतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

उघडयार शौचमुक्त राज्य करपाखातीर सरकारान बायो-टॉयलेट येवजण चालीक लायल्या. हया येवजणेखाला राज्यात 17000 बायो-टॉयलेट दितले. अशा बायो-टॉयलेटाखातीर सर्वसामान्य वर्गातल्या अर्जदाराक 4000, ओबीसी अर्जदाराक 2500 आनी एसटी अर्जदाराक 1000 रूपया फारीक करचे पडटले. गोंय उघडयार शौचमुक्त राज्य करपा खातीर गोंय घनरूप कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे अधिकारी नेटान कामाक लागल्यात.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/335